# <u>रक्षक पुरस्कार स्वातंत्र्य दीसा भेटयतले</u>

ता. 22 जून 2017

1 आषाढ 1939

समाजातल्या महिलांप्रती आदर आनी प्रतिश्ठा दाखोवपाक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान महिला आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयावतीन दितात ते दोन राज्य रक्षक पुरस्कार ता. 15 ऑगस्ट 2017 म्हळ्यार स्वातंत्र्य दीसा भेटयतले.

घरात, कामाच्या जागेर वा हेर खंयच्याय भौशीक जाग्यांचेर महिला आनी भुरग्यांआड जावपी कसल्याय हिंसा वा अत्याचारावेळार त्या महिलेक वा भुरग्याक संरक्षण दिवपाक वा मदत करपाक धाडस  दाखोवपी व्यक्तीक हे पुरस्कार दितात. पुरस्काराखातीर अर्ज करपी व्यक्ती 1 जानेवारी 2017 मेरेन फाटल्या 5 वर्सा गोंयात राबीतो करपी आसपाक जाय आनी अशाच तरेच्या कार्याखातीर खयचोय हेर पुरस्कार घेतलेलो आसपाक जायना तशेंच 1 जोनवारी 2017 मेरेन व्यक्तीची पिराय 25 वर्सा वयर आसपाक जाय.

पात्र व्यक्तीनी अर्ज आनी कार्याच्या माहितीची सीडी आनी विहित नमून्यातलो अर्ज ता. 3 जूलय 2017 मेरेन महिला आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय, शिक्षण खात्याची पोरणी इमारत, 18 जून मार्ग पणजी हांगा सुपूर्द करचे.

अर्ज आनी हेर माहितीखातीर 2235308 वा 2426112 ह्या फोन नंबरावयाल्यान खात्याच्या कार्यालयात संपर्क करचो.